

शून्यातल्यान शून्याकडेन

नीला तेलंग

शून्यातल्यान शून्याकडेन

नीला तेलंग

शुन्यांतल्यान शुन्याकडेन

(कवितां झेलो)

नीला तेलंग

Shunyantlyan Shunyakaden

(Poems)

By Neela Telang

हेरंब प्रकाशन

© नीला तेलंग

पयली उजवाडावणी
२०१२

छापणावळ
रोहन मल्टिग्राफिक्स,
पणजी, गोंय

मुखचित्र
श्रीधर कामत बांबोळकार

मांडावळ
अमोल कामत • ९४२३०५६३३३

मोल : रु. १००/-

हे पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीचे 'साहित्य प्रभा' येवजणे खाला उजवाडायलां.

म्हज्या मोगाच्या शोनूक

हेरंब उर्फ आल्हाद

मायेमोगान

मनोगत

दुसरें पुस्तक आनी हांव काडटलें अशें धरूंकच नाशिल्लें. पूण गोंय कोंकणी अकादेमीचे उपकार की तांणी ५० टक्के अर्थीक पालव दिलो आनी हांव मुखार सरलें.

तसो फकत अर्थीक प्रस्न नाशिल्लो हो. म्हज्या मनांतय उमेदशी नाशिल्ली. पूण मायान (माया खरंगटे) म्हणलें, नूतनानय (नूतन साखरदांडे) सुचयलें, भौ. रमेश वेळुस्कारान विचारलें आनी हळूहळू म्हजें मन पालवी धरूंक लागलें. तांचे आनी अशा कितल्याश्याच बऱ्या मागण्यांचे उपकार. प्रा. राजय पवार आनी प्रा. हनुमंत चोपडेकार हांणीय छापून दितां म्हणून हात फुडें केल्लो. तांकांय दिनवासतां. सुफलान (सुफला गायतोंडे) विचारिना फुडें हयकार दिवन उपकारांत दवरलां. श्री. अमोल कामतीन टायपसॅटिंग करून दिलां. तांचे उपकार. म्हज्या भरकटिल्ल्या कल्पनांक चित्रांत बांदून काडपाचें काम श्रीधरभाईन (श्रीधरकामत बांबोळकार) मनार घेतलें हें तर म्हजें भाग्यच. ताका दिनवासतां. माधवबाबान प्रस्तावना दिवन धन्य केलां.

म्हजो पयलो झेलो मोगाच्यो कविता म्हणून कांय जाणांनी म्हणलें, हातूंत मोगाच्यो कविता न दिवपाचो प्रयत्न केला.

मनांत खदखदता तें कागदार ओतप हें म्हजें कवित्व. तुमकां मानवल्यार तें जैत.

देव बरें करूं.

- नीला तेलंग

मांडावळ

शुन्य / ७
फास्की / ८
समारंभ / ९
साहित्यीक / १०
सती / ११
सत्कार / १२
माया / १३
हांव किते तरी सांबाळूंक सोदतां / १४
अप्रूप / १५
पिशें / १६
आई गे!/ १७
सत्ता / १८
बॅलन्स / १९
दुस्वास / २०
इंगळो / २१
कुड्डें / २२
बुदवंतकाय / २३
दो या तीन / २४
सांवळी / २५
वेदना / २६
कुंडेकुस्कूर / २७
बंडखोर / २८
स्यमंतक मणी / २९
नेपोलियन आनी आईन्स्टायन / ३०
हांव आनी तूं / ३१
हात / ३२
शेणिल्लें हांव / ३३
सोंशीकपण / ३४
अस्तित्व / ३५
पूरबसे... / ३६
गाडी / ३७
भाऊक / ३८
चायल्ड लेबर / ३९
एड्स प्रिव्हॅन्शन / ४०
परंपर / ४१
टू मिस व्हेलोसो / ४२
अपमान / ४३
माया / ४४
मोग कवीचेर करूं नाका / ४५
तेन्ना आनी आतां / ४६
एका रामाक / ४७
जन आनी सामान्य / ४८
मनीस / ४९
चक्रम / ५०
उपासक अनंताचे / ५१
तूं आनी हांव / ५२
रुख / ५३
ज्ञात / ५४
दुकां / ५५
लडाय / ५६
भांगराची देग / ५७
पावस १ / ५८
पावस २ /५९
देव / ६०
बाळकृष्ण / ६१
शीण / ६२
मोतीं / ६३
दोळे / ६४
रडप / ६५
कूड / ६६
चंद्रीम / ६७
पुरुशार्थ / ६८
भावार्थ / ६९
तटस्थ / ७०
सपनां आनी बाजार / ७१
जीण / ७२
उमाळे / ७३
मनशांचीं जंगालां / ७४
उलो / ७५
चलप / ७६
चंद्राक / ७७
असामान्यताय / ७८
उतरां आनी वेदना / ७९
बोथट हांव / ८०
मोग / ८१

शुन्य

म्हाका युधिष्टिर भेटता
तेन्ना हांव धृतराष्ट्र जातां
भीम मेळ्ळो जाल्यार
शकुनी जातां
दुर्योधन भेटल्यार
भीष्म जाले भशेन दिसता
दु:शासन मेळ्ळो जाल्यार
हांव अभिमन्यू जातां
आनी एकलेंच आसता तेन्ना?
तेन्ना हांव शुन्य आसतां.

फास्की

फास्की कित्याक चौकोनीच फोटवा खातीर?
बंडाक म्हज्या जाय वाटकुळो आकार.
काळजांतल्या सोनुल्याची छबी
दवरली तशे फास्केंत उबी
आनी तुवें म्हज्या शोनुल्याकच
माल्लें फास्के सयत खुरसार!

समारंभ

ऑफिसांतल्यान परततकच
एक समारंभाचो आसत.
दोळ्यांत हांसल्या जोनींची आरत
हार-तुरे गळ्यांत घाल्ले हात.
आनी 'मम्मा'चो जप स्वागतगीत.
वळख आनी वेगळी फातो आसत?

साहित्यीक

तुज्या पोल्यार पयशांची कांती
टंवटंवता,
गच्च बऱ्या भरिल्ल्या आंगाक
कदेल पर-परत दसता
आनी परंपरेच्या पांयांची व्हाण प्रतिश्ठा
मुखार बागवता
ताचें म्हाका पडून वचुना.
म्हाका सोंसना,
ती तुज्या साहित्यार चडिल्ली सूज!

सती

बडयो घेवन गेलों सतीच्या मागार
बायलेक हांगा दितां मद्‌दां फांसार.

सत्कार

कित्याक हार? कित्याचो सत्कार?
देहाचो, बुद्दीचो, मनाचो,
प्रतिभेचो, ज्ञानाचो?
तेदूसय हांव तेंच आशिल्लें
तोच देह, बुद्द, मन,
प्रतिभा, ज्ञान
पूण तुमच्या नदरांनी आशिल्लो तिरस्कार
जाय आशिल्लो म्हाका धिराचो हात फाटीर
आनी आयज हांव समर्थ उबें म्हणून
म्हज्या पांयार?

माया

सत्यभामा! तूं सद्गुणांची पुतळी
म्हज्या मनाची राणी रुक्मिण भोळी.

हांव कितें तरी सांबाळूंक सोदतां

लोकां कडल्यान हांसून घेतां
हांव कितें तरी सांबाळूंक सोदतां.
दुसऱ्याक बनवपाची प्रवृत्ती
प्रतिशठीत संस्कृती
हांव बनवन घेतां
हांव हांसून घेतां ।।1।।
ही वृत्ती हीन
मोडूंक हांव ल्हान
हांवं विरोध करतां
हांव बनवन घेतां ।।2।।
विस्वासाचेर आसूं विस्वास
म्हणून दाखयना अविस्वास
थंडपणान मानून घेतां
असो हांव विरोध करतां ।।3।।

अप्रूप

हांव म्हणल्यार न्हय म्हजें रूप
न्हय नाट्यपूर्ण सादरीकरणाचें रंगोवप
म्हणूनच ना म्हाका तुज्या जयजयकाराचें
अप्रूप!

पिशें

तूं दिमखुऱ्यांनी धांवत वेंगायता
भांगराचीं चिपां
हांव दोनय हातांनी उधळटां
म्हजेर शिंवरिल्लीं वज्रां-कॅम्पां

आई गे!

आई गे!
शेनूचे दोळे तुका देवळांनी सोदतात.
ओले घाय तुज्या पदरा बगर चरचरतात.
आनी पातकड्यांचे पलतडीन
दुकां चोंदतात.

सत्ता

सत्तेचे पळोवन सुवाळे
म्हाका लागल्यात वितरागाचे दुवाळे.

बॅलन्स

एक आनंद.
जिखिल्ल्या डावांत बुद्धीबळाच्या
एक आनंद
सोडयिल्ल्या उदाहरणांत गणिताच्या
एक आनंद
मिळनांत एका मुल्याच्या
एक आनंद
पापीत कुकुल्याच्या
आनंदाच्यो बेरजो करना
बॅलन्स मारल्यो
उरल्ले सगळे गुणाकार, भागाकार
आनी वजाबाक्यो.

दुस्वास

कुच्च करून दुखोवपांत
आसता एक जैत
जैतांत एक कैफ धुंद
धुंदींत आनंद!
हांव केन्नाच कुच्च करिना
जैत म्हजे वाटेक वचना
धुंदीचें ना नांवनिशाण
पूण एक समाधान!
आनंदाक आसा
समाधानाचो दुस्वास!

इंगळो

सूर्य आसपावतालो म्हजे वेंगेंत वज्रकठोर
तशें जाल्लें जाल्यार,
चान्नें जावपाचें कडून भांगर
पूण मदींच काजुल्यान दिपकावन
अपशकून केलो
आनी जल्मलो
एक धगधगीत इंगळो!
जळत भितरले भितर
जावपी फकत गोंवर!

कुड्डें

थंय एक जोत तेंवता
म्हणून हांव हांगा परजळटां
म्हज्या काळखाच्या राज्यांत
नाजाल्यार म्हाका कुड्डे म्हणटात.

बुद्वंतकाय

कळ्ळां बुद्वंतकायेन हांवें
आपयलो एका गंकसाक
मास्तेक म्हणून गेनानाक
आतां पळयतां वाट
देव केन्ना करीत काकुळट?

दो या तीन

काल 'दो या तीन'
आयज बस्स दोन
फाल्यां एकाची रीत
मागीर कितें संकरीत?

सांवळी

वडाचे सांवळेंत गांठता गाय
वडाक कोण सांवळी दीत काय?

वेदना

म्हाका मानवली तुजी वेदना
ती मागल्यार
तुज्यो संवेदना कित्याक खर्शेल्यो
कळ्ळेंच ना!
नशीब -
म्हजें घुस्मटून रडप
तुवें चोरून व्हेलें ना.

कुंडेकुस्कूर

सगळ्यांक जाय चंद्र
प्रवास करपी आमी एकेच बोटीर
मात हांवें तुका पळयल्यार
तूं चोरता नदर
तुवें म्हजे वशीन मारल्यार नदर
हांव दाखयतां,
हांव त्या गांवचें नर?
कोणशाक कोणूच लेखनाशिल्लें कुंडकुस्कूर
चंद्रान धरला ताचो पदर.

बंडखोर

आमी शूरवीर बंडखोर
वाणी विचार आमचे प्रखर
निर्भीड, कालबाह्य अन्यायांचेर
आयच्या अन्यायांक सरना मुखार

स्यमंतक मणी

स्यमंतक मणी मुकुटांत सोबता.
म्हाका बेटीच चिंता
तो मज्या वांझेल्याच्या पाळण्यांत घोळना.

नेपोलियन आनी आईन्स्टायन

हांव जालें नेपोलियन
लोक नाचले मांथ्यार घेवन
तांकां शिटूकसाणीची जाण!

हांव जेन्ना आईन्स्टायन
सिद्धांताचेर म्हज्या फुलयो झेतान
भौसाचो भोवमान भोवमतान.

हांव आनी तूं

हांवें केल्यार खून
तुवें केल्यार शासन
कित्याक तर
हांव पडलें बायल मनीस
आनी तूं म्हालगडो पुरुस!

हात

देवान दिल्यात दोनच हात!
तूं समजलो सहस्त्र आसात.
हांव शिकिल्लें एकाचेंच कोंत
तुजे थयथयाट हजार
म्हजो एकच नमस्कार!

शेणिल्लें हांव

'तुमका लेगीत करुंक कळना'
मांय पुटपुटटा
'दोट्टी गोंट घालेच नात'
मांय फडफडटा
'म्हाका तूं समजून घेना'
घोव उमळटा
'हें गे कांय करतलें मवंग?'
शेजारी किटकिटटा
'Good Morning Madam'
भुरग्यांच्या दोळ्यांतल्यान ग्लोस ओतता
आनी गळ्यांत ते दोन कुकुलें हात
शेणिल्लें हांव, म्हाका मेळटा.

सोंशीकपण

आयज म्हजें रुचीक हुमण
पायसोरय भांगरा खाण
कार्यासुवाळ्याक कळवळून आमंत्रण
तेंच कारण, म्हंजें सोंशीकपण.

अस्तित्व

कर्णान बाण सोडलो
आनी अर्जुन सोंपलो.
पांच पुतांचें अभय
कर्णाच्या अस्तित्वाचो उदय.

पूरबसे...

घाण दवरिल्लें शेत गेलें खंय
आंगठ्याक लागून
घर कित्याक गेलें काय?
सय मारल्या आसून?

गाडी

तुझी गाडी नव्य पाडी
म्हणजी [illegible] पवन आवं येता [illegible]
किती मेळवलें तालंत ना गोडी
कशी मेळवलें तान्यांच या [illegible].

भाऊक

पेटयलो हांवें प्रचंड होमखण
करूंक ढोंगांचो गोबोर
पूण तुका खबर की म्हाका खबर
इंगळो दवरिल्लो तुवेंच हातार.

चायल्ड लेबर

भुग्याक वेठीक धरणात
आल्यार कायद्यांनी म्हणटा
दिल्लींचर आयगर्तीत दाखोवचात
आल्यार कशीं तुमचेच तुमीं.

एड्स प्रिव्हॅन्शन

धाडी घालून धरल्यो कित्याक?
बंदोबस्त केल्ल्यांक विकूंक?

परंपर

म्हजो पूत मोटो बुद्धवंत
शाणो म्हणून जैनवंत.
हांवें केलें धा लाख
ताचीं धा कोटींची मोख.
पूण लागलो वाव सभ्याक
वॉल्लबुद्दीच्या पडला भकीक.
म्हां यांनी ओंडपाच्या बदला
भिंकच्या दुवाळ्यांक लागला.
ना नाका फाल्याची ओढ
गाडयेचें ना ऑफिच मोड
नाका   फाटांक [illegible] पोटां
आनी उपरांत पोगं.

टू मिस व्हेलोसो

तुज्या उतरांच्या माराचो भडीमार
दिसलें जायत म्हजें मोनेपण लाचार
तुका समजलेंच ना
हांवें फारायलें केन्ना
तुजें भाशाप्रभुत्व अपरंपार!

अपमान

भावनांचें प्रदर्शन
नांचो अपमान!
कोणाचोय अपमान
अज्ञानाचें प्रदर्शन!

माया

म्हजे मायेक भंय ना कित्याक?
माप ना तिच्या अथांगपणाक.
तीच माया कांचवेता केन्ना?
नाका जाल्ली अपेक्षा जाता तेन्ना.

मोग कवीचेर करूं नाका

कवीचो श्वास कविता
ऑक्सिजन तुजो भश्टीना.
ताची नक्षत्रांची भेट
तुका भांगराचो मोंस आनी थाट
ताचो काळजांतलो आकांत
पावना तुज्या वाटागांत
भागलानें ताचें गात
तुजें तटस्थ स्वागत
तुज्या संतकळेच्या संतमागांत
केन्नांय मन ताचें अस्वस्थ
म्हणूनच म्हणटां तुका
मोग ताचेर करूं नाका.

तेन्ना आनी आतां

सूर्य हेवटेन उदेता
म्हणून दीस जाता, रात येता.
तेवटेन उदेल्यार?
रात पयलीं, दीस मागीर?

वानार घाल्लें तेन्ना
हांसप ओंठा वयलें कड्डूंक दिलें ना.
भायर सरलेंच ना काय?
जाग्या जाग्यार दवरून हातपांय?

हवेचो कणानकण भेश्टायतालो तेन्नाय
केलो ना कोणाचो मत्सर
आयचो म्हजो ॲर कण्डिशण्ड बरो कसो न्हय,
उपदेश सगळ्यांचो हजर.

एका रामाक

विश्वामित्री दायज मोटें कश्टी
निर्मिली तुजी प्रतिसृश्टी.
अभिल्लेन बांदल्या शबरीची पर्णकुटी
तुका दिवंक बश्ना बोरं उश्टीं
तुज्या काळजांतली पण्टी
पजळायना असंख्य मंदोदरींच्यो वण्टी!

जन आमी सामान्य

जन आमी सामान्य
वजें भर समाधान

तशें एक दीस नखेत्रांचेर,
राज्य केलें खीणभर.
किरीट अजून माथ्यार
अदृश्य म्हणून पथ्यार.

निर्मळ हांसपाच्या वांट्यांत
म्हाकाय भागाक घेतात.

जन आमी सामान्य
वजेंभर समाधान.

मनीस

मनीस कसो?
बुदवंत, शाणो, बगंय तसो.
दिना केन्नाच घुम्पूंक मान
वेळ पडल्यार तुजी गोळाक लावन.
मनीस कसो?
सामको पिसो.
आपली मान घेता घुम्पून
तुजी अगतिगता समजून.

चक्रम

भाजी जायत दोन रुपयांची
चार रुपयांक कित्याक घेवची?
भाज्जेकान्नीच्या दोळ्यांत फूल
पडटा म्हज्या पयशांक भूल.

हात भियेता घालूंक भीक,
पोलियोग्रस्ताच्या म्हालाक
सदळ म्हज्या हाताची वळख
तुका ना ताची पारख.

हीं कोंतां नेणा तुजो कॅल्क्युलेटर
उणो पडटा बावडो कंप्युटर
तुका समजावंक घाळ पडटां
तूं म्हाका चक्रम म्हणटा.

उपासक अनंताचे

ना ताका रुपकार
नादाचो ना भुभुत्कार
गंधाक ना चंवर
ना स्पर्शाक धार

तरीय कशें दर्शन धन्य
चोयवटानी नादब्रह्म गहन
गंधाक स्पर्श मंद
स्पर्शाक गंध धुंद

अनुभुती ही दाखोव कशी
म्हणूनच म्हजी कविता अशी

तूं आनी हांव

तुवें घेतना तांकां वापरून
दोळे धांपले तांच्या गरजां वटेन

हांवेंय घेतलो तांचोच आदार
धांवन तांच्या अडचणीं वेळार

आयज जिखलां तुवें वज्रसिंहासन
म्हाका दिलां तांणी काळीज हुमटावन

रुख

म्हज्या कोंकणीच्या घरा
रुख एक न्हय गे दारा
खांदे, ताळयो वयले चारा
॥ चंवरला ॥

संस्कृताच्चीं पाळां-मुळां
संस्कृतीचें मारें तळां
संस्कारांचें उदक गळां
॥ पोसवला ॥

फायचें गे कशें फलित
आयजच कशें फुलता कामत
फळां-फुलां घमघमीत
॥ दिश्टावला ॥

ज्ञात

गिन्यान तुजें जायत अमाप
म्हज्या प्रस्नाची जाप
तातूंतच सोदप?
ताचो आंवाठ एखादले आसपावत
पेल्यान ताज्याय, जें ज्ञात

दुकां

तुज्या हांमपांतल्यान
दुकां गळमणलीं
आनी म्हजीं दुकां
हांसूंक शिकलीं.

लडाय

लडायेची म्हाका नसाय
पूण जीण संघर्शाचीच न्हय?

जैताक म्हणलें पराभव लिपय
हारींत गुपचूप भोगले विजय.

म्हज्या विरुद्ध संवसार पुराय
ही म्हजी निमणी लडाय.

निश्चीत आपसोच हाचो निर्णय
म्हजो आसा पराजय.

भांगराची देग

दुखींक म्हज्या
भांगराची देग
म्हजे वेग
सोंशीक वॅंग

पावस १

तूं पावसाची वाट पळयता कितले उमेदीन
म्हाका पावसाचो भंय दिस
शाळा सुरू जाता म्हणून
पावस आंगार घेवंक तूं कितलो प्रसन्न
म्हाका दिसता -
पावस भायर रकचो आकांतान
पूण हांव आसुंदी घरांत
गच्च पांगरूण गुठलावन.
पावसाचें अप्रूप तूं घसघसून भोगता
आनी हांव पावसाच्यो दडको
अणभवपाचीं सवंगां करतां.
म्हज्या संवंगांक पावस भुल्लुसता
तुजे वटेन पावसाची फाट जाता

पावस २

पावसाच्या वल्न्या उल्यान सादयले
तेन्ना सत्रेचें अप्रूप दिसलें
आयज चिततां -
सत्रेच्या अवडंबरांत
पावसाचें पिशें कशें लिपयतलें?

देव

मागलें तितलेंय दिलें
तेन्ना समजलें
घडये तूं दितलो आशिल्लो तेंच
म्हाका चड फावो आशिल्लें.

बाळकृष्ण

आवयन घडयले भांगरा-खण
बापायन केलें परमळीत हिरण्य
आनी एक दीस आयलो एक राजपुत्र
माणकां-मोतयां, वज्रां-केंपांचे घेवन मंत्र
आयज म्हज्या पाळण्यांत धोलता कोण?
आनीकय एक बाळकृष्ण

शीण

हात थरथरतात,
मान कडकडटा
तरी तो बसींनी भोंवता.
ती कोणाकशी विनयता.
दोळ्यांनी कमी दिसता
मातशें वास्को बसीर चडयता?
आई-भाऊ विणें
कित्याक धाडलें
तांकां इतल्या बेगीन आपोवणें?

मोतीं

म्हज्या पदगाचें गांठीक
मोतीं आसा एक
कर्णान दोळ्यांत आटयिल्ल्या
म्हासागरांतल्यान गळसणिल्लो.

दोळे

दोळे सपनां विणिल्ले
दोळे सपनां शेणिल्ले
दोळ्यांत मळब अपरंपार
दोळ्यांत काळखाची धार
दोळे भरभरून उलोवपी
दोळे भळभळून व्हांवपी
म्हजे मुखार दोळेच दोळे
कांय तेळटले, कांय जोखतले

रडप

दोळे रडटात तेन्ना
काळीज रडटाचर्शे ना
काळीज रडटा तेन्ना
दोळे रडटाचर्शे ना.

कूड

तें थंय वठिल्लें झाड
म्हणल्यार
संवेदना गोठिल्ली कूड?

चंद्रीम

तुवें म्हणलें 'चंद्रीम हाडून दितां'
हांव अजून वाट पळयतां

पुरुशार्थ

तुवें मारल्यार पुरुशार्थ
म्हजो प्रतिकार मात अनर्थ

भावार्थ

थंय एक मंदीर, एक इगर्ज, एक मशीद.
हांवें पटयल्या काळजांत उजवात.

तटस्थ

जगांत म्हज्या ना भावना
शेणल्यात म्हज्यो संवेदना ।।
दोळ्यांत कित्याक वाळवंट?
आंवडो ताळ्यांत अस्फूट
आटला हांशाचो खळखळाट
सोडलां हावेसांचे बोट
उमेदीचो सहवास ना ।।
फुटपी मानवी बॉम्बस्फोट
आत्महत्यांनी बांदिललें पेंगट
अक्राळ-विक्राळ रस्ते अपघात
खुनी हल्ल्यांनी घाल्ले घाट
कित्यानूच काळीज हालना ।।
सुण्या-धनयाची ताटातूट
धांवता गाडये फाटोफाट
आडावचेंशें दिसलें उपाट
मनाक पूण ना नेट
आड्डून आडावप केलेंच ना ।।
गोळ घेवपी ते चलयेक
जाय आसलें एकदां मेळूंक
उलोवपाची संद सादूंक
एकदां तरी कशेंय समजावंक
तें तशें कशेंच जमलें ना ।।

सपनां आनी बाजार

हांवें म्हणलें 'मळब तोखेवया'.
तुवें म्हणलें 'वाडलां तें खावया'.
म्हाका जाय सुसंस्कृतायेचो आदर
तूं धांवता पयशकाराचें जिखूक उतर
असोच हो म्हजो-तुजो संवसार
म्हावीं सपनां आनी उक्तो बाजार

जीण

किण्ण भुरगेपण!
तारुण्य,
रखरखीत अरण्य!
वार्धक्य विशण्ण!
नाका अशी जीण
जाय दंभ, ढोंग हीन
जशी नितळ दर्पण

उमाळे

म्हजे असंख्य उमाळे
खुनखुतले
आनी भस्म करून ओतले.
अळंग जाले,
कवितां झेलें.

मनशांचीं जंगलां
(हती उलयता)

मनशांचीं जंगलां वाडत वतात
आमचीं रानां शेणत आसात
झुंडी आमच्यो सैरभैर
सोंडी मागीर सोदती कुळागर
वागाचो वंश उणो उणो
माकडांचो मोडला फाटी कणो
नागाचीं फोडां दंतहीन
सोरपां राजा हीनदीन
मनशांचीं जंगलां वाडत वतात
आमचीं रानां शेणत आसात.

उलो

आकांतून घाल्लो उलो
खंय खंय पावलो?
घात थंय तटास उल्लो
भंयान फांफसलो
पातकाच्या तोंडा वयलो
दर्प देंवयलो
हागिल्ल्याच्या हातांतलो
हावेस हांमयलो
पुत्रार्थाचे शिमे पेलो
अर्थ जागयलो.

चलप

चलपाचें हांवें थांबयलें
बरोबरच्यांक सोडून फाटीं
कितलींशींच मोडणां ग़ेलीं
एकलें चलूंक आतां दिसता भंय
लकलें जाल्यार आदाराक ना कोण,
दुखलें जाल्यार सांसपुपी ना म्हणून.
फाट कित्याक वळ्ळी सांग?
दिसली अनुजांची रांग.

चंद्राक

भुल्ना जग तूं सांवीत म्हणून
म्हाका भावना तुजी शीतळमाण
नाका म्हाका तुजो तो चकचक
ओडटा तुजें दायज सोंशीक
सुर्याचो धग लिपोवप
आनी चान्नें हांसप.

असामान्यत्व

म्हजी तृष्णा
दर्या जाणा
कोंड ओगीच
करता नाडेपेन्नां

म्हजी भरारी
मळब कातरी
धोलपी खांदी
करता मस्करी

म्हजो पर्जळ
वज्रतेजाळ
बेगडी जगाचो
अडेचो खळखळ

म्हजें दुख्ख
पृथ्वी अंतमूर्ख

हुयेली मारप्यांक
दुस्वासाचें सूख

उतरां आनी वेदना

उतरां म्हजीं बडबडूंक जाणांत
विश्वाच्या वाटारांत शेणनात
आशयघनता मळबाक तेंकता
दर्यांतळाची खोलाय पेंवता
वेदना मात काळजांत घुम्मटटा
अव्यक्त रावंक धडपडटा

बोथट हांव

म्हज्या रागाक धार ना
म्हज्या मोगाक सूर ना
म्हज्या दुख्खाक आवेग ना
सुखाक वेग ना
जिबेक रूच ना
दोळ्यांक व्हिस्त ना
कानांक श्रवण ना
कातीक भान ना
अशें हांव बोथट
मनीसपणाचें दायज फुकट.

मोग

सद्गुणांचेर जग भाळटा
तेन्ना चुकां वयलो मोग भावता
जाय तें ज्युस्त
वा ज्युस्त तें जाय, नासता
तेन्नाच मोगाचो आदार लागता.
जर-तर चें युग जरतारी
वास्तव दागता खंय तरी



उमाळे अनावर जातकच ते काळजांतल्यान कागदार देंवंक लागतात. हे उमाळे खतखत्तात आनी तांकां ओतो येवन अळंग आंगांत ते कवितेचें रूप घेतात हो नीलाबायचो अणभव. 'कुव्व करून दुखावपांत/आसता एक जैत आनी हाचें मुखा वयलें पावल म्हणल्यार ह्या 'जैतांत एक कैफ धुंद/धुंदींत आनंद मनीस सभावाचें दर्शन घडोवपी. ही कवयित्री आनंद म्हणल्यार कितें हाच्या सोदांत आसा. ती म्हणटा आनंदाक आसा समाधानाचो दुस्वास. हो एक मनशाच्या अणभवविश्वांतलो व्हड विरोधाभास. आनंदा बराबर दुस्वास येता हें सत नीलाबाय सांगता. वडाचे सावळेंत गाय गोठेता. गायक सावळी दिवपी वडाक मात माथ्यार सुर्या घेवचो पडटा. कितलें अर्थपूर्ण रूपक हें! ती ताच्यो वेदना आपल्यो करता. पूण तिका ताचो प्रतिसाद मेळटा तो 'तुज्यो संवेदना उणी पडटा म्हूण ती मोखून मारता. आनी 'आज हांवें मळब जिखलां/एकाच वेतान मेजूंक शिकलां' अशे उद्‌गार तिचे अभिव्यक्तीक फुट्टात. तिचे मायेक कसलोच भंय ना कित्याक तर तिचें अथांगपण मापूंक येना. 'ही माया कांचवेता केन्ना?/नाका आशिल्ली अपेक्षा जाता तेन्ना' अपेक्षाभंगा सारकिलें दुसरें दुख्ख ना. अपेक्षा ही सगळ्या दुख्खाचें मूळ हें सत ह्यो वळी अंडरलायन करता. चंद्रीम हाडून दिवपाच्या उतराक पाळो मेळना. आनी ताची वाट पळयत तिका बसचें पडटा. आयच्या संवसारांत सपनांक सुवात ना. आयज भोंवतणीं भल्ला तो बाजार अशी खंत हांगा व्यक्त जाल्या. जीण एक निर्मळ नितळ हारशा भशेन जावची म्हूण ती आंवडेता.

नीलाबायचे कवितेची भास सोंपी आनी सरळ. ती शब्दां कडेन कारणा विणें खेळना. कांय कडेन मात ती गद्या वटयां झुकता. हे कवितेची ती वाट न्हय. तिचो खरो प्रवास हो शुन्यांतल्यान शुन्याकडेन आसा.

हे कवयित्रीचो हो दुसरो कविता संग्रह. कवितेचे वाटे वयलें मुखार पडिल्लें आनीक एक पावल...

- माधव बोरकार